7th March 2026 7.25am

# प्रादेशिक खबर

अर्थसंकल्प मुख्यमंत्री -

मुख्यमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी सादर केल्ल्या, गोंयच्या 2026-27 वर्साच्या अर्थसंकल्पांत, वट्ट 30 हजार 195 कोटी रुपया खर्च करपाचो प्रस्ताव आसा, जो 7.21 टक्क्यांनी वाड दाखयता. वट्ट उत्पन्नाचो अदमास 29 हजार 181 कोटी रुपया आसा. अर्थसंकल्पांत 1 हजार 666 कोटी रुपयांची येणावळ उरिल्ली अपेक्षा आसा. गोंयच्या दर मनशाक जीएसडीपी 8.18 लाख रुपयाचो अदमास आसा, जाल्यार 2026-27 वर्सा, वट्ट जीएसडीपी 1.31 लाख कोटी रुपया मेरेन पावपाचो अदमास आसा, अशें मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. तशेच राज्याक केंद्र सरकारा कडल्यान, म्हत्वाचो अर्थीक आदार मेळटा, अशेंय तांणी सांगलें.

कालसावन संसदेचे अधिवेशन सुरु जाले. कालच्या दिसा मांडील्ले काय ठळक मुद्दे म्हण्ल्यार, 10 वर्सां कंत्राटी पद्दतीचेर आशिल्ल्या कामगारांक कायम करतले, सरकारी नोकरी आनी शिक्षणांत अनाथ भुरग्यां खातीर आरक्षण, तिसऱ्या जिल्ह्या खातीर व्हिजन कुशावती दस्तावेज तयार करपाचे आसात, शिक्षणा खातीर निधी वाटप 3 हजार 400 कोटी दितले, शिक्षणीक उत्कृश्टताय येवजण,आनी पायलट इत्सुकांखातीर 'मुख्यमंत्री उडान भरारी योजना' सुरू करतले, धारबांदोडा आणि सांगे हांगा नवीन आय.टी.आय येतले. अयोध्येत रामनिवास बांदपा खातीर गोंय सरकारान 25 कोटी रुपयांनी जमनीचो प्लॉट घेतला आनी अंदू बांदकाम सुरू जातले, अशी म्हायती मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी दिली. तांणी फुडें सांगलां की, पंढरपूर आनी वलांकिणींतल्या, विठ्ठल राखुमाई यात्री निवासांखातीर जमनीचे संपादन सुरू आसा.

NEP -

शैक्षणिक वर्स एप्रिलात सुरु करप समा न्ही. शैक्षणिक वर्सा पयली बशेन, जुन म्हयन्यासांवन सुरु करचे, अशी मागणी विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी केल्ली. मात, एप्रिल म्हयन्यातले फकत २० दिस पयली शैक्षणिक वर्स सुरु जाता, ताका आक्षेप आसपाक जायना, अशे मुखेलमंत्र्यांनी सांगले. हे करतना शैक्षणिक मळावेल्या जाळवणादारांचो सल्लो घेतला, अशेय मुखेलमंत्र्यांनी म्हळा.

भाजी पिकावळ -

गोंयच्या भाजी पिकावळ घेवपी शेतकारांक, राज्य सरकाराकडल्यान दितात त्या हमी भावात, वाढ करपाची गरज आसा. ती केन्ना मेरेन करतले, असो प्रस्न पेडेणेचे आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी केलो. इंब्रामपुरच्या शेतकारांक भाजी घालपाखातीर पेडण्या येवप पयस जाता, ताका लागुन इब्रामपुर वाठारात आनीक procurement center सरकारान सुरु करचे तशेच कोल्ड स्टोरेज सुविधा दिवची, कुंपणाखातीर सवलतीचो लाव दिवचो. तेचबरोबर ल्हान आकाराच्या जमनित जे भाजी रोयतात, तांकांय भाजयेविंशी चालीक लायिल्या सरकारी येवजणेचो लाव मेळोवन दिवचो, अशी मागणी आमदार आर्लेकार हांणी केली. ह्या वेळार शेतकी मंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी, भाजयेच्या पिकावळीचेर दितात तो हमी भाव, पाच वर्सा आदि रिवायस केल्लो. ते उपरातं तो करुंक ना, ताका लागुन हमीभाव वाडोवपाविंशी विचार करता, अशे सांगले.

जिल्होधिकारी एग्ना क्लीटस -

कुशावती जिल्लो खनिज फावंडेशन समितीची, जिल्होधिकारी एग्ना क्लीटस हांच्या अध्यक्षतेखाला काल बसका जाली. ही बसका मडगावच्या माथानी साल्ढाना प्रशासकीय इमारतीच्या सभाघरांत जाली. बसकेंत जिल्लो खनिज फावंडेशन निधीचो, जिल्लो संदर्भांत प्रभावी वापर करपा विशीं चर्चा जाली. तसेच ह्या निधी खाला जिल्ह्यांत चालू आशिल्ल्या उदरगतीच्या कामांचो नियाळ घेतलो. ह्या निधीचो वापर करुन

भलायकी, शिक्षण, पिवपाचें उदक आनी हेर सुविधांनी सुदारणा करपा संबंदी चर्चा जाली, अशी म्हायती सुत्रांनी दिली.

मिराबाग आंदोलक विधानसभा -

सावर्डे - मिराबाग हांगा येवपी धरणाक विरोध करपी चार आंदोलक काल थेट विधानसभेच्या अतिथी कक्षात पावले. सुरवेक विधानसभा सुरु जाल्या उपरांत, तांणी ह्या प्रकल्पाक विरोध करपी कागदी तक्ते उबारून घोशणा दिली. शिस्तभंग जाल्ल्यान, ह्या प्रकरणाचेर खर आक्षेप घेत, मुखेलमंत्र्यांनी ह्या आंदोलकांक अटक करची, अशी मागणी सभापती गणेश गांवकार हांचेकडेन केली. उपरांत, हे आंदोलन करपी ४ जाणांक पुलिस सुरक्षा रक्षकांनी, अतिथी कक्षातल्यान भायर काडले.

स्पोर्ट्स –

आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 विश्वचषकांत, फाल्यां अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर जावपी मेचीत, भारत न्यूझीलंड आड खेळतलो. ही मॅच सांजेच्या 7 वरांचेर सुरू जातली.

वेदर -

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, चडान चड तापमान 32.8 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 25 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.

-----------------